# लादेंन



म्हजे कुडींत कुप्प भितर
लिपला एक लादेन खोल
आनी एक बुद्ध
स्वयंप्रकाशी.. अंतर्यामी.

तांचें घनघोर युद्ध
सन सन सनातन
सासणाचें म्हज्या रंध्रारंध्रांत

बुद्ध जानी...
लादेनुय जानी
पूण बुद्धान जोडिल्लें
चौऱ्यांशी लक्ष शाणपण
जळताप काडून : आपणाली
कणकण जीण खणून

मेळयलें गिजान लादेनान
आनी साबार विज्ञान
लिप-चोरयां
नागोवन - बिगोवन
पेल्यांक - हेरांक..
साभारांक.

ताचेलागीं आसा
अलक्ष ॲटमांची शक्त
पूण तो जाला अशक्त
सांडून शाणपण.

आयचे आयज हांगचो हांगाच
पिपळ एक म्हजो म्हाकाच
लावचो पट्टलो आनी अजान
पट्टलो काडचो शिंपून
म्हज्या रक्तान अहिंसक ताज्या
राखचो पटट्लो आनी मोगाळ
मनीस कायेचें इल्लें इल्लें घालून
फुडाराखातीर.. पिरथुमेच्या.

कारण हांव जाणा
लादेनाक ना मर्ण
जालेच जाल्यार एक कीर्ण
जिणेचें करीत ताका
बुद्ध, अंतर्बाह्य

ते खातीरूच हांव
सोदता एक पिपळा रोपी
तुमच्या... म्हज्या मनीस-कुडींत...
मोक्ष-मुक्तीदात्री
लादेनाक

- बाळकृष्णजी कानोळकार